# एक तालुको, एक उत्पादन उपक्रम

ता. 31 जुलय 2025

उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य संचालनालया वतीन गोंय राज्यांतल्या थळाव्या उद्देगांक प्रोत्साहन, अर्थीक वाड आनी रोजगार संदी निर्माण करपा खातीर 'एक तालुको, एक उत्पादन' उपक्रमं सुरू करपात येतलो.

हो उपक्रमं यशस्वी करपा खातीर उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य संचालनालयान दर एक तालुक्यात थळाव्या उत्पादनांक प्रोत्साहन दिवपा खातीर लोकांकडल्यान सुचोवण्यो मागयल्यात. दर एक तालुक्यात विशेश उत्पादनांची निवड करून थळावीं उपलब्ध साधनां, कुशळटाय आनी तंत्राचो वापर करून त्या उत्पादनांचो विकास करप वा प्रोत्साहन दिवप हो उपक्रमाचो उद्देश आसा.

थळावे नागरीक, वेवसायिक, कारागिर आनी उद्देजकांनी ह्या उपक्रमा खाला उत्पादनांक प्रोत्साहन दिवपा खातीर आपल्यो सुचोवण्यो दिवच्यो. उत्पादनाची म्हायती, तालुक्यातली साधनां, सुविधा, वाव, बाजारातली मागणी आनी हेर म्हायती 30 दिसांभितर गुगल प्रकारात https://forms.gle/yBJeVeFSvtS766oW8 चेर वा dir-indu.goa@nic.in ह्या ईमेला वरवीं सुपुर्द करची.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/651

--
----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.